Panaji regional 3 feb 2026 at 7.20 pm devashri kamat

नमस्कार आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागा वरवीdk तुमका प्रादेशिक खबरो दिता

ह्यो आसात काय मुखेल खबरो

- फुडल्या 4-6 म्हयन्याभितर AI तंत्रगिन्याचो चडान चड भलायकी मळार उपेग करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.
- केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामन हांणी मांडील्लो अर्थसंकल्प विकसित भारताक दीशा दीवपी असो आधुनिक भारताचो roadmap आसा अशे मत भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी व्यक्त केला.
- गोंय पुलीस खात्यान आयोजीत केल्ली पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकांची राज्य पांवड्यावयली परिशद आयज पणजे हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षते खाला जाली.
- गोंय शालान्त मंडळान यत्ता णववेच्या दुसरें सत्र परिक्षे संबंदी घेतिल्ल्या एका म्हत्वपूर्ण निर्णयात मुखेल विशयांच्यो प्रस्न/पत्रिका मंडळ स्वता तयार करून शाळांक दितलें अशें थारला.

विश्वजित रश्मि

फुडल्या 4-6 म्हयन्याभितर AI तंत्रगिन्याचो चडान चड भलायकी मळार उपेग करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

गोंयात मार्च 2025 ते आतामेरेन 20 lung cancer positive केशी सापडल्यात ,जाल्यार आतामेरेन वेगवेगळ्या 17 भलायकी केंद्रानी तशेंच गोंय वैजकीय

म्हाविद्यालयाच्या हाॅस्पिटलात lung cancer च्या 1 लाख आठ हझार चारशे chavryattr जणांची x ray screening केला.जाल्यार ह्या चाचणेवरवी lung cancer खातीर एक हझार सशेपन्नास दुबावीत गांठ मेळील्ले दुयेती आसा अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.2026 मेरेन अशा प्रकारची 2 लाख उपचार घेवपी दुयेतींची चांचणी AI यंत्रणेचो उपेग करून जातली अशे मंत्री राणे हांणी सांगला. AI च्या ह्या भलायकी सुविधेखातीर Qure AI ह्या कंपनीकडे गोंय भलायकी खात्यान कबलात केला.

जाल्यार 2027 मेरेन इस्त्रायलात तयार केलेल्या भलायकी विषयक उपकरणांचो वापर करून बांबोळे cancer hospital चालीक लागतले अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.ह्या प्रकल्पाचो प्रधानमंत्र्याचे कार्यालय शेगीत नियाळ घेता अशी म्हायती विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

दामू रश्मि /ganesh

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामन हांणी मांडील्लो अर्थसंकल्प हो अभ्यासपुर्व तयार केल्ल्लो असो व्यवहारीक,देशाची प्रगती करपी,लोकाभिमुख,तशेंच विकसित भारताक दीशा दीवपी असो आधुनिक भारताचो roadmap आसा अशे मत भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी व्यक्त केला.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. ह्यावेळार CA जयराम खोलकार हाजीर आशील्ले. ह्या अर्थसंकल्पात केल्ल्या वेगवेगळ्या तरतुदींचो गोंयाक तरेकवार मळार फायदो जातलोच,पुण खास करून नाल्ल आनी काजु पिकावळ,blue economy खातीर केल्या अर्थिक तरतुदींचो फायदो गोंयाक चड जातलो अशे दामोदर नायक हांणी म्हळा.

आयकर कायदो,कर लाभ , MSME, Sea mart, Semi conductor उत्पादन निर्मिती,तांतुल्यान रोजगार संद,तशेंच देशाची अर्थिक बाजु घटमुट दवरून भारताक विश्वगुरू करपाची मोख दवरपी हो अर्थसंकल्प जावन आसा अशे दमोदर नायक हांणी म्हणला.

police dip

गोंय पुलीस खात्यान आयोजीत केल्ली पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकांची राज्य पांवड्यावयली परिशद आयज पणजे, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षते खाला जाली.

परिशदेत मुख्यमंत्र्यानी दिवचल पुलीस स्टेशनाक 2025 वर्सा खातीर भारतातले उत्कृश्ट पुलीस स्टेशन म्हूण पाचवे स्थान फावो जाल्ले खातीर प्रशस्ती/पत्र भेटोवन उत्कृश्ट कामगिरी आनी भौशीक सेवेतल्या वचनबद्धतेची दखल घेतली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान पुलीस यंत्रणां मजबूत करपाच्या आनी तांत्रिक क्षमता वाडोवपाच्या उद्देशान दोन म्हत्त्वपूर्ण उपक्रमांचो शुभारंभ केलो. तातूंत सायबर अर्थिक फसवणूक प्रकरणां खातीर ई-झिरो FIR मॉड्यूल आनी प्रिझम (प्रोॲक्टिव्ह रिस्क आयडेंटिफिकेशन अँड सर्व्हेलन्स मेकॅनिझम) - इंटेलिजेंट फ्यूजन सेंटर हांचो आस्पाव आसा.

ह्या परिशदेक मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस महासंचालक आलोक कुमार, पुलीस महानिरीक्षक केशवराम

चौरसिया, जिल्हाधिकारी, पुलीस अधीक्षक, खातें प्रमुख, आनी वरिश्ठ पुलीस अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावेल्यान aayktaat

आता मुखावेल्यो खबरो

Prasnpatrika सुभाष

गोंय शालान्त मंडळान यत्ता णववेच्या दुसरें सत्र परिक्षे संबंदी घेतिल्ल्या एका म्हत्वपूर्ण निर्णयात मुखेल विशयांच्यो प्रस्न/पत्रिका मंडळ स्वता तयार करून शाळांक दितलें अशें थारला. हे पेपर शाळांनीच काडचे, अशें आदी थारील्ले. आता हो बदल फकत प्रशासकीय कारणांक लागून केलां अशें मंडळान आपल्या अधिकृत परि/पत्रकांत स्पश्ट केलें. नव्या आदेशा प्रमाण भास, गणित, विज्ञान आनी समाजीक शास्त्र ह्या सारक्या core विशयांच्यो प्रस्न/पत्रिका आतां मंडळ स्वता तयार करतले. तांच्या वांटपा संबंदी म्हायती बेगीनूच जारी करतले अशेंय परि/पत्रकांत म्हणलां. हाका लागून पुराय गोंय राज्यांतल्या यत्ता णवेच्या विद्यार्थ्यां खातीर एकूच दर्जाची आनी समान प्रस्न/पत्रिका आसतली. आतां शाळांक फकत कुशळटाय आदारीत आनी शालेय पांवड्यावेल्या अंतर्गत मुल्यांकन विशयांचे पेपर काडपाचे मर्यादीत अधिकार उरल्यात. दुसरे वटेन ज्या विशयांनी शाळांक स्वातंत्र्य मेळ्ळां ताचेर मंडळाची बारीक नदर आसतली. शाळांनी तयार केल्ल्यो प्रस्न/पत्रिका मंडळाच्या 'ब्लू प्रिंट' आनी मानकां प्रमाण आसपाक जाय अशी खर शिटकावणी दिल्या. परिक्षेचो दर्जो तिगोवन दवरपा खातीर मंडळान एक खाशेली समिती तयार केल्या. ही समीती शाळांनी तयार केल्ल्या प्रस्न/पत्रिकांची पुराय तपासणी करतले.

बूक fair Mahesh

पणजेंत 'गोवा पुस्तक महोत्सव 2026' नॅशनल बुक ट्रस्ट (एनबीटी), भारत सरकार, गोंय सरकार आनी समर्थ युवा फावंडेशन हांणी जोडपालवान आयोजीत केला. हो भव्य पुस्तक महोत्सव पणजेंतल्या भावूसाहेब दयानंद बांदोडकर मैदानांत 4 ते 8 फेब्रुवारी 2026 मेरेन नामनेच्या व्यक्तींच्या हाजिरेंत जातलो. ह्या महोत्सवाचें औपचारीक उक्तावण गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत करतले.ह्या वेळार कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर, एनबीटीचे अध्यक्ष प्राध्यापक . मिलिंद सुधाकर मराठे आणि हेर मानेस्त उपस्थित आसतले. ह्या महोत्सवाचीं खाशेलपणा म्हणलयार शंबरां परस चड प्रकाशकांचे 200 स्टॉल हांगा आसतले. इंग्लीश, कोंकणी, मराठी आनी हेर भारतीय भाशांतल्या पुस्तकांचो खजिनो वाचप्यांक मेळटलो.महोत्सवांतल्या सगळ्या पुस्तकांचेर 10 टक्के  सवलत दितले. सगळ्या नागरिकांक प्रवेश फुकट, आनी महोत्सवाचो वेळ सकाळीं 11 ते रातीं 8 मेरेन आसतलो.तशेच पांच दिसांच्या ह्या महोत्सवांत साहित्य, सिनेमा, इतिहास आनी

अध्यात्म ह्या मळांवेले दिग्गज आसतले. हांतुत दिग्गज अभिनेतो आनी दिग्दर्शक सचिन पिळगांवकार, नामनेची अभिनेत्री मृणाल कुलकर्णी, साहित्य अकादमी पुरस्कार विजेते सदानंद मोरे, नामनेचे विचारवंत आचार्य प्रशांत आनी  फिल्म

निर्माता चंद्रप्रकाश द्विवेदी आसतले. हे विशी उलयताना नॅशनल बुक ट्रस्टचे संचालक युवराज मलिक हांनी म्हणले की

स्पोर्ट्स

गोवा क्रिकेट असोसिएशनाच्या फोंडा विभागीय 14 वर्सां सकयल्या आंतर शालेय क्रिकेट सरतीत  ए.जे.डी.आल्मेदा हायस्कुलान जैत मेळयलें. निमाणे मॅचींत तांणी खांडेपारच्या एमआयबीके हायस्कुलाक 6 विकेटींनी हारयले . मडकयच्या  मैदानाचेर ही मॅच जाल्ली.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान tettis डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान एकवीस  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

आत खबरो सोपोव्चे पयली परत एक फावत काय मुखेल खबरो

- फुडल्या 4-6 म्हयन्याभितर AI तंत्रगिन्याचो चडान चड भलायकी मळार उपेग करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.
- केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामन हांणी मांडील्लो अर्थसंकल्प विकसित भारताक दीशा दीवपी असो आधुनिक भारताचो roadmap आसा अशे मत भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी व्यक्त केला.
- गोंय पुलीस खात्यान आयोजीत केल्ली पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकांची राज्य पांवड्यावयली परिशद आयज पणजे हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षते खाला जाली.
- गोंय शालान्त मंडळान यत्ता णववेच्या दुसरें सत्र परिक्षे संबंदी घेतिल्ल्या एका म्हत्वपूर्ण निर्णयात मुखेल विशयांच्यो प्रस्न/पत्रिका मंडळ स्वता तयार करून शाळांक दितलें अशें थारला.